## गोंयच्या अर्थविवस्थेविशी श्री.शांताराम नायक हांणी केल्ल्या विधानाचेर सरकारचो खुलासो

ता.2 जानेवारी 2018
12 पौष 1939

सरकारान राज्यसभेचे आदले खासदार श्री. शांताराम नायक हांणी गोंयच्या अर्थविवस्थेविशी केल्ल्या विधानाचेर खुलासो केला. श्री.शांताराम नायक हांणी 1 जानेवारी दिसा पत्रकावरवी 2016-17 अर्थिक सर्वेक्षणाच्या अहवालाच्या आदाराचेर राज्याच्या महसूल तुटीचो आकडो वाडत आसा आनी तो 2016-17 वर्सा 2001.83 कोटींचेर पावला अशें म्हणला, तशेंच 2012 सावन रीणाचो आकडो वाडला आनी गोंय रीणात बुडला असो आरोप केला.

हे बाबतीत सरकारान खुलासो केला, कुडचडेचे आमदार श्री. निलेश काब्राल हांणी 18 डिसेंबर 2017 दिसा विधानसभेत लक्षवेधी सूचोवणी मांडून 2004-05 ते 2016-17 वर्सा मेरेनच्या अर्थिक तुटीचो आकडो दिल्लो. 2016-17 वर्सा खरी अर्थिक तुट 934.63 कोटी आसा आनी न्हय 2001.83 कोटी(अर्थिक सर्वेक्षण 2016-17 इस्टीमेटाप्रमाण) आनी अर्थिक तुट जीएसडीपीच्या थाराविक नेमांभितर आसा.

तशेंच सरकारान रीण फारीक करपाक, पगार आनी पेन्शन फारीक करपाक, वीज खरेदी खर्च फारीक करपाक, सामाजिक, शैक्षणिक, शेती आनी हेर वेगवेगळया येवजणां खालची अर्थिक मजत फारीक करपाचे चुकोवना. तशेंच राज्याच्या सामाजिक-आर्थिक आनी साधन सुविधांच्या विकासाच्या खर्चाची खात्री दिल्या, अशेंय खुलाशात फुडें म्हणला.